# <u>शाळांच्या भुरग्यांखातीर पोस्टर सर्त</u>

ता.4 एप्रिल 2018
14 चैत्र 1940

गोंय सरकाराच्या उजो पालोवपी अग्निशमन दिसानिमतान ता. 8 एप्रिल 2018 दिसा मुळाव्या आनी माध्यमिक शाळांच्या भुरग्यांखातीर पोस्टर सर्त आयोजीत केल्या. सर्त दोन गटानी आयोजीत करतले. 7 ते 10 वर्सां पिरायेच्या गटाखातीर सुरक्षीत उजो, असुरक्षीत उजो असो विशय आसा जाल्यार 11 ते 14 वर्सां पिरायेच्या गटाखातीर उज्याचे अपघात टाळपाक शकतात असो विशय आसा.

ही सर्त पणजें-डॉन बॉस्को हायस्कूल, म्हापसा-सरकारी मुळावी आनी माध्यमिक शाळा, वास्को-सेंट ॲण्ड्रयू संस्था, पिळर्ण साळगांव-सेंट लार्डिस कॉन्व्हेंट, पेडणे-सरकारी मुळावी शाळा सुरबानवाडो, फोंडा-आल्मेदा हायस्कूल, दिवचल-सरकारी मुळावी शाळा, वाळपय-जवाहर नवोदय विद्यालय, ओल्ड गोवा-ओल्ड गोवा एज्यूकेशन संस्था, कुंडय-शिक्षा सदन हायस्कूल, मडगाव-सेंट सेबेस्त्याव इग्लिश हायस्कूल, कुडचडे-सर्वोदय हायस्कूल, काणकोण-नगरपालिका सभाघर, वेर्णा- भारतीय विद्या भवन नारायण बांदेकर गोवा हाऊसिंग बोर्ड कॉलनी उपासनगर ह्या केंद्राचेर घेतले. सकाळी 10.00 वरांचेर सगळ्यां केंद्राचेर सर्तीक सुरवात जातली.

चड म्हायतीखातीर खात्याच्या ीस-षळीश.सेरऽपळल.ळप ह्या संकेत थळाचेर वा उजो पालोवपी दळाचे अधिकारी श्री. अजीत कामत मो. नं. 9763717053 आनी श्री. रवी नाईक मो. नं. 8308846740 हांचे कडेन संपर्क करचो.